Akashwani Panaji

Regional news

4th November 2026 7.20 pm

- मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज इफ्फी २०२६ च्या तयारीचो नियाळ घेतलो.
- मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय सरकारान राज्यांतल्या १२ म्हालातल्या २४ प्रशिक्षण संस्थांच्या माध्यमांतल्यान १२ हजारांपरस चड तरणाट्यांक कौशल्य प्रशिक्षण दिवपाचें उद्दिष्ट दवरलां अशे सांगला
- दक्षिण गोंयांतल्या कुडपे आनी सुकोर्णा खनिज ब्लॉकांत बेगीनुच खनिज उत्खनन सुरू जातलें, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- गोय औद्योगीक उदरगत महामंडळ राज्यांतल्या सगळ्या उद्योगीक वसाहतींची उजो सुरक्षा तपासणी करपाखातीर वावर सूरु करतले अशे GIDC चे अध्यक्ष आलेक्स रेजिनाल्ड लोरेन्स् हांणी सांगला

Rashmi 82

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज इफ्फी २०२६ च्या तयारीचो नियाळ घेतलो. पणजे गोंय मनरीजवण संस्थेच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका घेवन तांणी इफ्फीच्या तयारेची पळोवणी केली.गोंय चित्रपट अर्थसहाय्य येवजणेवरवी मंजूर केल्ले पयशे फुडल्या ८ ते १० दिसांनी दीतले, अशी म्हायती तांणी दिली.सिनेमा मळावेल्या जाळवणदारांनी केल्ल्या सूचवण्यांचो विचार करून गोंय चित्रपट अर्थसहाय्य येवजणेची फेररचना करतले, अशेंय तानी सांगलें. इफ्फीच्या काळांत गोंयचे दिग्दर्शक आदित्य सुहास जांभळे हांचो सत्कार करतले. तशेंच, इफ्फी २०२६ चो curtain raiser कार्यक्रम १२ नोव्हेंबराक दिल्लींत जातलो, अशी म्हायती मुखेल्मन्त्र्यानी दिली.

Rashmi / गणेश 180

दक्षिण गोंयांतल्या कुडपे आनी सुकोर्णा खनिज ब्लॉकांत बेगीनुच खनिज उत्खनन सुरू जातलें, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. डिसेंबर म्हयन्यांत आनीक 8 ते ९ खनिज लीजांचो लिलाव करतले, अशी म्हायती तांणी दिली. राज्यांतल्या खणकामाची म्हायती दितना मुख्यमंत्र्यानी , आतां मेरेन 17 खनिज ब्लॉक लिलाव जाला आनी तातूंतल्या 6 ब्लॉकांत काम सुरू जालां अशे सांगला .दक्षिण गोंयांत खनिज उत्खनन सुरू करपाखातीर सरकार भौशीक सुनावण्यांसयत/ हेर गरजेच्यो परवानग्यो आनी प्रक्रिया बेगीन पुराय करपाचो यत्न करतलें, अशें मुखेलमंत्र्यान सांगलें.खनिज वेवसाय सुरू करपाक लोकांनी सरकाराक सहकार्य करचें, अशें

आवाहन /मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केलें. खनिज लीजांचो लिलाव करपाखातीर सरकारान खूब यत्न केल्याचें तांणी सांगलें.ह्या खनिज वेवसायांत स्थानिकांक रोजगाराची संद मेळटली. तशेंच, जमिनीच्या संपादनाखातीर आनी जमिनीच्या वापराच्या हक्कांखातीर दिवपाच्या भरपायाचीं मोल / सरकार थारायतलें, अशे मुखेलमंत्र्यान स्पष्ट केलें. खण भाडेकारांनी गरजेचे कागदपत्र आनी परवाने मेळोवपाची प्रक्रिया बेगीन पुराय करची. हे प्रक्रियेंत गरजे भायर कळाव करपी भाडेंकरूंक अधिसुचोवणी जारी करतले अशीय शिटकावणी मुख्यमंत्र्यानी दिल्या.पर्यावरणाची राखण करून शाश्वत पद्दतीन राज्यांत खणकाम सुरू करतले. खणकामाक लागून राज्याची येणावळ वाडटलीच पूण थळाव्या नागरिकांक रोजगाराचीय संद मेळटली. खनिजांची येरादारी करपी ट्रक मालकांच्या दरांतय सुदारणा जातली अशें तांणी स्पश्ट केलें.

Jan 80

गोय औद्योगीक उदरगत महामंडळ राज्यांतल्या सगळ्या उद्योगीक वसाहतींची उजो सुरक्षा तपासणी करपाखातीर वावर सूरु करतले अशे GIDC चे अध्यक्ष आलेक्स रेजिनाल्ड लोरेन्स् हांणी सांगला.उद्योगीक वसाहतींतली उज्या सुरक्षेची वेवस्था आनी आपत्कालीन तयारी अजून घटमूट करपाखातीर महामंडळ पावला उखलता. आपत्कालीन परिस्थिती वेळार बेगोबेग प्रतिसाद दिवपाची तांक वाडोवपाखातीर आनी अशा प्रकारच्या घडणुकांचो धोको उणो करपाखातीर उजो सुरक्षा मॉक ड्रिल आयोजीत करपाचो प्रस्ताव महामंडळान दवरला. " उद्योगीक वाठाराची , कामगारांची आनी पायाभूत सुविधांची सुरक्षा हे आमचे सर्वोच्च प्राधान्य आसा," अशेंय महामंडळाच्या अध्यक्षांनी सांगला.

Rashmi 88

गोंय सरकारान राज्यांतल्या १२ म्हालातल्या २४ प्रशिक्षण संस्थांच्या माध्यमांतल्यान १२ हजारांपरस चड तरणाट्यांक कौशल्य प्रशिक्षण दिवपाचें उद्दिष्ट दवरलां अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी लोकभवनांत आयोजीत युवक कौशल्य विकास संमेलनांत उलयताना दील्या.पर्यटन, आतिथ्य सेवा, बँकिंग, ल्हान वेवसाय आनी लॉजिस्टिक्स अशा वेगवेगळ्या मळावेले प्रशिक्षण ह्या उपक्रमावरवी दीतले . प्रशिक्षणार्थींक गणवेश, येरादारी भत्तो तशेंच प्रशिक्षणाउपरांत रोजगार मेळोवपाक सरकार मजत करतले.तशेंच, प्रशिक्षणार्थींक अप्रेंटिसशिप काळांत दर म्हयन्याक १३ हजार रुपयां दीवपाची तरतूदय सरकारान केल्या. राज्यांतल्या तरणाट्यांक रोजगाराखातीर सक्षम करून तांकां स्वावलंबी करप हो ह्या उपक्रमाचो मुख्य हेतू आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

Crackers 64

दिवाळेच्या आदीं कुशवती जिल्ह्याच्या जिल्होधिकाऱ्याच्या कार्यालयान भौशीक सल्लो जारी करून फुगेत्वेयांचो व्यवहार करपी सगल्या दुकानदारांक आनी विक्रेत्यांनी जतनाय घेवपाचो आदेश दिला .विक्रेत्यांनी कार्यक्षम उजो पालोवपी उपकरण उपलब्ध आसात हाची खात्री करची पडटली, परिसरा लागसार धूम्रपान करपाक बंदी घालची पडटली आनी आणीबाणीच्या वेळार भायर सरपाची सुवात दवरची पडटली. उज्याचो धोको आडावपाक आनी भौशीक सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपाक खर पालन करप गरजेचें आसा हाचेर अधिकाऱ्यांनी भर दिला.

जिओथर्मल – १००

भारत जिओथर्मल ऊर्जा स्रोतांच्या सोद आनी उदरगतीक चालना दिवपाखातीर एका समर्पित धोरणावरवी आपल्या अक्षय ऊर्जा आराखड्याक बळगे दित आसा.भारत सरकारान 'नवीन आनी अक्षय ऊर्जा मंत्रालया'खाला २०२५ वर्सा 'भूंय-तापीय ऊर्जेविशिचे राष्ट्रीय धोरण' (National Policy on Geothermal Energy) अधिसूचित केला.हे धोरणात देशातले सुमारे १० हजार ६०० मेगावॅट इतले संभाव्य भूंय-तापीय ऊर्जा स्रोतांचो सोध घेवपाखातीर एक मार्गदर्शक आराखडो आसा. तातूंत सोधकार्य, गुंतवणूक आनी तांत्रिक उदरगतीक ऊर्बा दितले.जिओथर्मल ऊर्जेक चोवीस वरां उपलब्ध आसपी, विश्वासार्ह अक्षय वीज स्रोत म्हूण ऊर्बा दिवन, हो उपक्रम भारताची दीर्घकालीन नितळ ऊर्जेची उद्दिश्टा आनी २०७० मेरेन 'नेट झिरो' (Net Zero) उत्सर्जन हुंबपाचे ध्येय पूराय करपाक मजत करता.

Jan 104

सर्वोच्च न्यायालयाच्या निर्देशाप्रमाण आनी राज्य शिक्षण संचालनालयाच्या मार्गदर्शक सूचवणेप्रमाण , राज्यांतल्या सगळ्या सरकारी आनी अनुदानित शाळांतल्या पात्र विद्यार्थिनींखातीर म्हयन्या पाळयेच्या नितळसाणी संदर्भांत प्रधानमंत्री भारतीय जनऔषधी केंद्रांतल्यान सॅनिटरी नॅपकिन फुकट उपलब्ध करून दितले.शाळांनी लागसारच्या प्रधानमंत्री भारतीय जनऔषधी केंद्रांतल्यान सॅनिटरी पॅड जनऔषधी केंद्रांतल्यान विकत घेवन चलयांक दिवप बंधनकारक आसा. खरेदी खातीर येवपी खर्च शाळांक परत मेळटालो.

Diwali 82

उजवाडाचो उत्सव, दिवाळी लागीं येता आनी कलाकार बाजारांत विकपा खातीर नारकसुराचें मुखामळ आनी आकाशदिवे व्हडा खोशयेन तयार करतात. नरकासुराचीं मुखमला, विक्री

खातीर बाजारांत आयल्यांत. हि प्रथा जायत्या वर्सां सावन कलाकार पाळटात अशें नानोडाच्या एका कलाकारान सांगला . नारकासूर आनी हातान तयार केल्ल्या आकाशदिव्याची विक्री अजूनय आसा, आनी मागणी पुराय करपा खातीर दिवाळी बाजाराची तयारी बेगीन सुरू जाल्या अशें कलाकारांनी सांगलें.

Sports30

रणजी ट्रॉफी क्रिकेट सर्तीत एलायट ग्रूप 'अ' गटात गोंय आनी बिहार पंगडामदी पणजे जिमखाना मैदानात जाल्ल्या खेळात आयज तिसऱ्या दिसा गोंयान बिहार पंगडाक एक डाव आनी एकशे सत्त्यात्तर धावंड्यानी हारयले. गोंय पंगडान पयल्या डावात 397 धावंड्यो केल्ल्यो. ते उपरांत काल दुसरे दिसा बिहार पंगडाचो पयलो डाव 107 धावंड्यात सोपल्या उपरांत तांका फॉलो ऑन मेळील्लो. आयज तिसरे दिसा गोंय पंगडान बेसबरी गोलंदाजी करताना बिहारचो दूसरो डाव 113 धावंडयांत सोपयलो. दुसऱ्या डावात गोंयच्या ललित यादवान 5 गडे बाद केले जाल्यार यश कासावणकर हांणे 3 गडे बाद केले.

Imd

पणजी वेधशाळेच्या म्हणण्या प्रमाण आज राज्यांत चडंत चढ तापमान ---३०.5-- अंश celcius नोंद जाला आणि उण्यात उणे ----२५- अंश celcius नोंद जाला.

Partun ek favt aycho Mukhelkhabro

- मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज इफ्फी २०२६ च्या तयारीचो नियाळ घेतलो.
- मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय सरकारान राज्यांतल्या १२ म्हालातल्या २४ प्रशिक्षण संस्थांच्या माध्यमांतल्यान १२ हजारांपरस चड तरणाट्यांक कौशल्य प्रशिक्षण दिवपाचें उद्दिष्ट दवरलां अशे सांगला
- दक्षिण गोंयांतल्या कुडपे आनी सुकोर्णा खनिज ब्लॉकांत बेगीनुच खनिज उत्खनन सुरू जातलें, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- गोय औद्योगीक उदरगत महामंडळ राज्यांतल्या सगळ्या उद्योगीक वसाहतींची उजो सुरक्षा तपासणी करपाखातीर वावर सूरु करतले अशे GIDC चे अध्यक्ष आलेक्स रेजिनाल्ड लोरेन्स् हांणी सांगला